म्हजें घर येवजणे खाला कोमुनिदाद, सरकारी आनी खासगी जमनींतलीं अनधिकृत घरां अधिकृत करपाचे अर्ज सोमारच्यान संबंदीत कार्यालयांत उपलब्ध आसतले, अशी माहिती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी दिल्या.

गोंय निवळ उर्जा road map 2050 अंमलबजावणी कार्यशाळेचे पणजेत उक्तावण जाले.

गोंयांतुय आत्मनिर्भर भारत आनी स्वदेशीच्या उपेगाविंशी भाजपाचेकार्यकर्ते लोकांमदी जागृताय करतले अशे भाजपाचे फुडारी नरेंद्र सावयकार हांणी सांगले.

पादुकोण स्कूल ऑफ बॅडमिंटन हांणी गोवा बॅडमिंटन असोसिएशन कडेन खेळगड्यांक प्रशिक्षण दिवपा खातीर कबलात केल्या.

Ganesh

म्हजें घर येवजणे खाला कोमुनिदाद, सरकारी आनी खासगी जमनींतलीं अनधिकृत घरां अधिकृत करपाचे अर्ज सोमारच्यान संबंदीत कार्यालयांत उपलब्ध आसतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसके उपरांत ही म्हायती दिली.

म्हजें घर येवजणेचे कार्यवाही खातीर मुखेलमंत्री सावंत हांच्या मार्गदर्शना खाला मंत्रालयांत बसका जाली. महसूलमंत्री बाबूश मोन्सेरात, महसूल सचीव संदीप जॅकीस, उपजिल्लोधिकारी, मामलेदार, कोमुनिदाद प्रशासक हे बसकेक हाजीर आशिल्ले. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांचे हस्तुकीं हे येवजणेचो 4 ऑक्टोबराक शुभारंभ जालो.

म्हजें घर येवजणे खाला इकरा विवीध तरेचे अर्ज आसत. तरीय येवजणेचे मुखेल जे 5 अर्ज आसात, ते सोमार सावन उपलब्ध करतले. येवजणेचे अर्ज, फॉरमॅट हाची सविस्तर म्हायती अधिकाऱ्यांक दिल्या. कार्यवाहे खातीर पुस्तिकाय तांकां दितले,अशें सावंत हांणी बसके उपरांत म्हणलें.

Rashmi

गोंय निवळ उर्जा road map 2050 अंमलबजावणी कार्यशाळेचे पणजेत उक्तावण जाले. निवळ, पाचवे, आनी टिकावू गोंयच्या दिकेन हो रोड मेप एक व्हड पावल थारतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. ह्यावेळार गोंय नवीकरणीय उर्जा क्षमता नियोजन अहवाल,नेट पॉझिटिव्ह पंचायत (एनपीपी) उपक्रम - दरेक पंचायती उर्जा स्वावलंबीत करपाचो भारताचो पयलो कार्यक्रम आनी राज्यभरांतल्या भलायकी सेवा सुविधांक सौरीकरण करपा खातीर सेल्को फावंडेशन कडेन कबलात जाली.

पर्यावरण पुरक उर्जेचो रांदपाकातीर उपेग, सौर छप्पर, जैव उर्जा ह्या सारक्या उपक्रमांतल्यान आमी स्वताचेर आदारीत आनी टिकावू गोंया कडेन मुखार वतले अशे ह्यावेळरा वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी म्हणला.

Rashmi Postal

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय प्रदेशाचे टपाल सेवा संचालक रमेश पाटील हांची भेट घेतली. ह्या वेळार गोंय राज्या खातीर टपाल खात्यान ग्रामीण डाक सेवक (जीडीएस) भरती अटींनी दुरुस्ती करपाक मान्यताय दिल्ल्या संबंदी अद्ययावत म्हायती मेळ्ळया अशी म्हायती मुखेलमंत्री सावंत हांणी दिल्या.

सुदारीत धोरणा खाला गोंयांतल्या जीडीएस पदांचेर अर्जदारांक कोंकणी भाशेंत कुशळटाय सक्तीची केल्या. ते भायर कोंकणी आनी मराठी हांकां भरती खातीर

थळावी भास म्हूण अधिकृत मान्यताय मेळ्ळ्या. धावे मेरेन कोंकणी वा मराठी भाशेंतल्यान शिकिल्ले उमेदवार पात्र थारतले. पूण मराठींत कुशळ आशिल्ल्यांनी कोंकणी भाशेंतय कुशळटाय दाखोवपाची गरज आसतली.ही म्हत्वाची सुदारणा गोंयकारांक भरती मळार प्राधान्य दितली, थळाव्या तरणाट्यांक चड रोजगार संदी निर्माण करतली, गोंयांत टपाल सेवा दिवपाची वेवस्था घटमूट करतली असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार उक्तायलो.

Rashmi

शेती चड फायदेशीर आनी टिकावू करपा खातीर शेतकी, पर्यटन आनी अन्न प्रक्रिया हांका चड उर्बा दितनाच नवनिर्माण, तरणाट्यांचो सहभाग आनी तंत्रज्ञानान चलपी वाड हांचेर भर दिवपाक जाय अशे मत उद्देग मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी उक्तायला. ते ASSOCHAM, भारत सरकार, गोंय सरकार तशेंच गोंय उद्देग म्हामंडळ आनी नाबार्ड हांच्य जोडपालवान आयज agriculture conclave 2025 त मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ह्या परीशदेत शेतकी धोरण निर्माते, उद्देग भागधारक, तज्ञ, नवनिर्माण करपी, शेतकी स्टार्ट अपाचे जाळवणदारांनी वाटो घेतिल्लो.

ह्या वेळार आयएएस, अधिकारी अर्जुन मोहन,असोचेम गोंय राज्य विकास परिशदेचे अध्यक्ष मंगीरीश पै रायकर, असोचेम गोंयचे सह-अध्यक्ष डॉ.सागर साळगांवकार तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

Rashmi

आत्मनिर्भर भारत आनी स्वदेशी वस्तुचो उपेग करपाचो नारो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला. हे फांटभुयेंर देशांत आत्मनिर्भर भारत संकल्प अभियान चालीक लायला. गोंयांतुय आत्मनिर्भर भारत आनी स्वदेशीचो उपेगा विंशी, तशेचं वोकल फोर लोकल जागृताय करपाक हो संकल्प प्रत्यक्ष चालीक लावपाच्य हेतान

भाजपाचे कार्यकर्ते लोकांमदी जागृताय करतले अशी म्हायती भाजपाचे फुडारी नरेंद्र सावयकार हांणी दिल्या.

आत्मनिर्भर भारत संकल्प अभियानाच्या फांटभुयेंर गोंयांत 40 सुय मतदारसंघानी स्वदेशी मेळावो आयोजित केला. तशेचं गोयकारांमदी वचुन तांच्यो सायनी घेवन संकल्प पत्र तयार करपाची मोख भाजपान दवरला. ह्या पत्रात सुमार 2 लाख गोंयकारांच्यो स्वाक्षरी आसतल्यो अशे अपेक्षित आसा.

GSBSAP

गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळान आयज पर्वरे SCERT परिसंवाद हॉलांत माध्यम प्रतिनिधी आनी बिगर सरकारी संस्थां खातीर भागधारक सल्लागार बसका घडोवन हाडली. गोंय राज्य जैवविविधताय रणनीती आनी कृती येवजण – वा GSBSAP – अंतिम करपाचे चालू प्रक्रियेचो एक भाग म्हूण ही बसका जाली. GSBSAP चो निमाणो मसुदो 60 दिसांच्या काळा खातीर भौशीक सल्लामसलती खातीर उपलब्ध केलले आनी भागधारकां कडल्यान इनपुट मेळोवपा खातीर वेगवेगळ्या प्लॅटफॉर्मांचेर मोठ्या प्रमाणात प्रसारित केल्लो अशी म्हायती अधिकाऱ्यांनी दिली.

हो मसुदो अहवाल आमच्या X हँडलाचेर उपलब्ध आसा.

Sushant

दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायतीन फाटल्या पाच वर्सांत समादानकारक काम केल्ले आसून ह्या पाच वर्सांत ह्या पंचायतीन लागीं-लागी शंभर टक्के निधीचो वापर केला अशी म्हायती दक्षिण गोंय जिल्हा पंचायतीच्यो अध्यक्ष अनिता थोरात हांणी दिली.

आयज ह्या जिल्हो पंचायत मंडळाची म्हयनाळी बसका जाली. ह्या बसकेत उदरगतीची कामा आनी हेर कामांच्या वावरांचो नियाळ घेतलो.

Sushant

साश्टी तालुक्यात आस्पावपी राय पंचायतीचे नवे उपसरपंच म्हूण गॉडफ्रे ऑसवल्ड सौझा हे आयज वेंचून आयले. आयज जाल्ले वेंचणुकेत तांणी सिथिंया फर्नांडिस हांचेर ६ आड ५ मतांनी जैत जोडले.

Sushant

गोंयांतल्या मुखेल फुटबॉल क्लबामदी आसपावपी चर्चिल ब्रदर्स फुटबॉल क्लबाच्यो सीईओ वालंका आलेमाव हांची फिफाच्या संवसारिक बायलां फुटबॉल उदरगत समितीची वांगडी म्हणून निवड केल्या. लावरा जॉर्जिस ह्यो हे समितीच्यो अध्यक्ष आसात.

Badminton

पादुकोण स्कूल ऑफ बॅडमिंटन हांणी गोवा बॅडमिंटन असोसिएशन कडेन खेळगड्यांक प्रशिक्षण दिवपा खातीर आनी राज्यांत प्रशिक्षणाची उदरगतय करपाखातीर कबलात केल्या. पादुकोण स्कूल ऑफ बॅडमिंटनचे प्रकाश पादुकोण आनी गोवा बॅडमिंटन असोसिएशनाचे मनोज पाटील हांणी आयज मीरामार समजिकाय कबलातीचेर सयो केल्या. ह्या वेळार उलयतना पादुकोन हाणी म्हळें....

CNRT

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.